# राष्ट्रीय योगा ऑलिम्पियाड-2025 खातीर  निवड चांचणी

ता. 27 मे 2025

कन्याकुमारी, तामिळनाडू हांगा 15 ते 18 जून 2025 मेरेन आयोजीत राष्ट्रीय योगा ऑलिम्पियाड सर्तीत सहभागी जावपाक मिडल स्कुल पांवडो चार चले/चलयो (6वी ते 8वी इयत्तेंत शिकपी विद्यार्थी) आनी माध्यमिक पांवडो चार चले/चलयांचो (9वी ते 10वी इयत्तेंत शिकपी विद्यार्थी) योगा पंगड निवडपा खातीर खेळां आनी युवा वेव्हार खात्यान ता. 30 मे 2025 दिसा सकाळीं 9.00 ते 10.00 वरां मेरेन बहुउद्देशीय सभाघर, साखळी, दिवचल हांगा निवड चांचणी आयोजीत केल्या. योगा खेळगडो शाळेचो नियमीत विद्यार्थी आसपाक जाय.

इत्सुक योगा खेळगड्यांनी शाळेचे वळखपत्र/खेळा कार्ड आनी तीन पासपोर्ट आकाराच्या फोटो सयत निवड चाचणीच्या थळार खेळा अधिकाऱ्याकडेन संपर्क करचो. चड म्हायती खातीर एपीईओ एग्निस डायस मो. नं. 7057721016 हांचे कडेन संपर्क करचो.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/489

--

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.